Panaji National 2nd March 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तीन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर काल सांजवेळा जामनगर पावले. फुडले दोन दिस ते जायत्या कार्यावळींनी वांटो घेतले.
- शेतकी क्षेत्राची उदरगत आनी ग्रामीण समृध्दी हें दोट्टी ध्येय साध्य करपा खातीर सरकार मुखार वता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.
- राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींतल्या वायु प्रदुशणाचे पातळेचेर नियंत्रण दवरपा खातीर दिल्ली सरकारान 15 वर्सां परस चड पोरन्या वाहनांक 31 मार्चा उपरांत पेट्रोल पंपांचेर इंधन मेळचें ना अशें थारायलां.
- भारताचे सकल माल आनी सेवा कर (जीएसटी) संकलन फाटल्या वर्साच्या त्याच म्हयन्याच्या तुळेंत फेब्रुवारींत 9.1 टक्क्यांनी वाडून 1,84,000 कोटी रुपया जाल्या.
- आयसीसी चॅम्पियन्स ट्रॉफींत आयज दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत भारत न्यूझीलंड आड खेळटलो.

------------------------------------------------------

PM Gujarat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तीन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर काल सांजवेळा जामनगर पावले. फुडले दोन दिस ते जायत्या कार्यावळींनी वांटो घेतले. मोदी आयज वंतारा पशु निवारण आनी पुनर्वसन केंद्राक भेट दितले. हाचे उपरांत ते सोमनाथ देवळाक भेट दितले आनी सोमनाथ महादेवाची पुजा करतले. मोदी सासानाक भेट दितले आनी सोमनाथ ट्रस्टाचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

प्रधानमंत्री नॅशनल बोर्ड फॉर वाइल्डलायफ (एनबीडब्ल्यूएल) च्या बसकेची येजमानकी चलैतले. एनबीडब्ल्यूएलांत 47 वांगडी आसात, तातूंत लष्करप्रमुख, वेगवेगळ्या राज्यांतले वांगडी, ह्या मळार काम करपी एनजीओचे प्रतिनिधी, मुखेल वन्यजीव वार्डन आनी वेगवेगळ्या राज्यांतले सचीव आसात. मोदी सोमनाथ देवळांत प्रार्थना करतले आनी उपरांत देवळाचें वेवस्थापन करपी श्री सोमनाथ ट्रस्टाचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. प्रधानमंत्री ह्या ट्रस्टाचे अध्यक्ष आसा.

-----------------------------------------------------

PM

शेतकी क्षेत्राची उदरगत आनी ग्रामीण समृध्दी हें दोट्टी ध्येय साध्य करपा खातीर सरकार मुखार वता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल व्हर्च्युअल रित्या शेती आनी ग्रामीण समृध्दीचेर अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारात उलोवप करतना मोदी हांणी सांगलें, विकसीत भारताच्या ध्येया कडेन वचपाचो सरकाराचो संकल्प खूब स्पश्ट आसा. शेतकार समृध्द आनी सशक्त जावपी भारत उबारपाचे दिकेन आमी एकठांय येवन वावुरतात अशें तांणी सांगलें. तांणी म्हणलें, खंयचोच शेतकार फाटीं उरचो न्हय हे खातीर सरकाराचो यत्न आसा. शेती हें उदरगतीचें पयलें इंजिन मानून सरकारान शेतकारांक अभिमानाची सुवात दिल्या अशें मोदी हांणी सांगलें. आतां मेरेन पीएम किसान सम्मान निधी येवजणे खाला शेतकारांक सुमार 3 लाख 75 हजार कोटी रुपयां दिल्या अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय अर्थसंकल्पांत सरकारान 'पीएम धन धान्य कृशी येवजण' जाहीर केल्या, जाचे खाला देशांतल्या सगळ्यांत उण्या शेतकी उत्पादकता आशिल्ल्या शंबर जिल्हयांच्या उदरगतीचेर लक्ष केंद्रीत करतले अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. आयज शेतकी उत्पादन विक्रमी पांवड्यार आसा अशें तांणी म्हळें.

अंदूच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पांत ग्रामीण समृध्दी आनी उदरगत कार्यावळींची घोशणा जाल्ल्यान जायत्यो नव्या रोजगार संदी निर्माण जाल्यात अशें मोदी हांणी सांगलें. सद्याच्यो येवजण्यो चड प्रभावी करपाचो विचार करपाक प्रधानमंत्र्यान सांगलें. अर्थसंकल्पीय ध्येय साध्य करपा खातीर सगल्या भागधारकांनी एकवटीतपणान वावुरचें असो उलो तांणी मारला.

-----------------------------------------------------

**Amit Shah**

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल मणिपूरचे सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी 8 मार्चा सावन राज्यांतल्या सगळ्या मार्गांचेर लोकांची मुक्त येरादारी सुनिश्चीत करपाचो निर्देश दिलो. नवी दिल्लींत मणिपूरचे राज्यपाल अजय कुमार भल्ला हांच्या हाजिरेंत सुरक्षा परिस्थितीचेर जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद श्री शाहान रस्त्यांचेर आडमेळीं निर्माण करपी लोकां आड खर कारवाय करपाचो निर्देश दिलो. मणिपूरच्या आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर थारायिल्ल्या प्रवेश बिंदूच्या दोनूय वटांनी कुंपण घालपाचे काम बेगीनांत बेगीन पुराय करचें अशें निर्देश शाह हाणी दिले.

हे बसके वेळार गृह सचीव गोविंद मोहन, गुप्तचर ब्युरोचे संचालक तपन कुमार डेका आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. फाटल्या म्हयन्यांत राज्यांत राष्ट्रपती राजवट लागू जाल्या उपरांत ही पयली अशी बसका.

---------------------------------------------------------

**VP Telangana**

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड आज तेलंगणांतल्या भारतीय तंत्रज्ञान संस्था-हैदराबादच्या विद्याथ्यां कडेन आनी प्राध्यापकांक संवाद सादतले. संगरेडी कलेक्टर व्ही.क्रांती हांणी आयआयटी-हैदराबादचे अधिकारी, पुलीस आनी कर्मचारी हांचे बरोबर उपराष्ट्रपतीच्या भेटीचे वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. मजगतीं, राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळ आनी शमशाबाद वाठारांत ड्रोन, पॅरा ग्लायडर आनी मायक्रो लायट विमानां सयत हवाई वाहनांच्या उड्डाणचेर बंदी घाल्या.

---------------------------------------------------------

**Delhi Pollution**

राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींतल्या वायु प्रदुशणाचे पातळेचेर नियंत्रण दवरपा खातीर दिल्ली सरकारान 15 वर्सां परस चड पोरन्या वाहनांक 31 मार्चा उपरांत पेट्रोल पंपांचेर इंधन मेळचें ना अशें थारायलां. दिल्लीचे पर्यावरण मंत्री मंजिंदर सिंग सिरसा हाणी वायु प्रदुशणाच्या प्रस्नाचेर अधिकाऱ्यां कडेन बसका घेवन प्रदुशणा आड जायते उपाय जाहीर केल्यात. बसके उपरांत मिडिया कडेन उलयतना सिरसा हांणी सांगलें, सरकार पेट्रोल पंपांचेर गॅजेट बसयतले, जाका लागून 15 वर्सां परस

चड पिरायेच्या वाहनांची वळख जातली. अशा वाहनांची वळख करून तांकां शारांत प्रवेश आनी भायर सरपाक बंदी घालपा खातीर पंगड तयार करतले अशीय घोशणा मंत्र्यांनी केल्या. प्रदुशण नियंत्रीत करपा खातीर दिल्ली विमानतळ, बहुमाळयेच्या इमारतींनी आनी हेर व्हड कार्यालयांनी anti-smog gun बसवप सक्तीचें करतले अशें तांणी सांगलें.

---------------------------------------------------------

GST

भारताचे सकल माल आनी सेवा कर (जीएसटी) संकलन फाटल्या वर्साच्या त्याच म्हयन्याच्या तुळेंत फेब्रुवारींत 9.1 टक्क्यांनी वाडून 1,84,000 कोटी रुपया जाल्या. आकडेवारी प्रमाण, फेब्रुवारीत सेगीत 12 व्या महिन्यात 1 लाख 70 हजार कोटी रुपयां मायज GST संकलन जाला. हातूंत केंद्रीय जीएसटींतल्यान 35 हजार 204 कोटी, राज्य जीएसटींतल्यान 43 हजार 704 कोटी, एकीकृत जीएसटींतल्यान 90 हजार 870 कोटी आनी भरपाय सेसांतल्यान 13 हजार 868 कोटी रुपया मेळ्ळयात. फेब्रुवारींत वट्ट 20 हजार आठशें णवशीं कोटी रुपया परतावो जारी केल्लो. अशे तरेन फेब्रुवारी म्हयन्यांतलो निव्वळ जीएसटी संकलन 8 पूज्य एक टक्क्यांनी वाडून सुमार एक लाख 63 हजार कोटी रुपया जालो. आंकडेवारी प्रमाण फेब्रुवारी 2024 वर्सा जीएसटीची वट्ट येणावळ एक लाख 68 हजार कोटी रुपया आशिल्ली. अंदू जानेवारींत जीएसटी संकलन 12.3 वर्सुकी वाडी संयत 1,96,000 कोटी रुपया आशिल्ले.

---------------------------------------------------------

VP Mumbai

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी भारतातल्या प्राचीन ज्ञान केंद्रांचे पुनरुज्जीवन करपाच्या महत्त्वाचेर भर दिला आहे. मुंबईत के.पी.बी हिंदुजा कॉलेज ऑफ कॉमर्सक ७५ वर्सा पुराय जाल्ल्या निमतान आयोजित कार्यक्रमात संबोधित करताना तांणी ओदंतपुरी, तक्षशिला, विक्रमशिला, सोमपुरा, नालंदा आणि वल्लभी यांसारख्या देशातल्या प्रतिष्ठित शैक्षणिक संस्थांचो उल्लेख केला, जय एकेकाळार जगभरातले विद्वान ज्ञान दिवपाखातीर आणि संस्कार करपाखातीर आयल्ले. धनखर हाणी दर्जेदार शिक्षण ही एक मोलादीक भेट अशें स्पश्ट करून शिक्षणीक उत्कृश्टताये कडेन सामुहीक यत्न करपाचो उलो मारलो.

-------------------------------------------------------

WPL

डब्ल्यूपीएल 2025 टी-20 क्रिकेट मॅचींत काल रातीं बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर दिल्ली कॅपिटल्सान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 9 विकेटींनी हारयलो. हाचे बरोबर दिल्लीन प्लेऑफांत आपली सुवात निश्चित केली. 148 धांवड्यांचें लक्ष्यचो फाटलाव करपी दिल्ली कॅपिटल्सान फक्त 15.3 ओव्हरींनी सहज तें साध्य करून मॅच जिखली. दिल्ली खातीर जेस जोनासेन आनी शफाली वर्मा हांणी दुसरे विकेटी खातीर 146 धांवड्यांची अभेद्य भागीदारी केली. शफाली वर्माक 43 बॉलांनी 80 धांवड्यो मेळोवन दिल्ल्या डावा खातीर प्लेयर ऑफ द मैच पुरस्कार फावो जालो. जोनासेनान 38 बॉलांनी 61 धांवड्यो केल्यो. ताचे आदीं पयली फलंदाजी करून रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून 20 ओव्हरींनी 5 विकेटी वगडावन 147 धांवड्यो केल्यो. बेंगळुरा खातीर आलिस पेरीन 47 बॉलांनी 60 धांवड्यो केल्यो.

-------------------------------------------------------

ICC

आयसीसी चॅम्पियन्स ट्रॉफींत आयज दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत भारत न्यूझीलंड आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जातली. दोनूय पंगडांनी अ गटांतल्यान उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळयल्या.पूण ही मॅच म्हत्वाची आसा कारण तातूंतल्यान गट फुडारी थारतले. मंगळारा उपांत्य फेरयेंत जैतिवंत पंगड ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो जाल्यार हारपी पंगड बुधवारा दक्षिण आफ्रिके आड खेळटलो. मजगतीं, काल रातीं कराचींत इंग्लंडाक 7 विकेटींनी हारोवन दक्षिण आफ्रिकेन उपांत्य फेरयेंत पावल घाले. ह्या जैताक लागून दक्षिण आफ्रिका ब गटांत पयल्या सुवातेर पावली.

-------------------------------------------------------